-

**<u>आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करपाक 30 सप्टेंबर मेरेन मुजत वाड</u>**

ता. 2 जुलय 2024

आधार कार्डाची म्हायती रेशन कार्डाक जोडपाक 30 सप्टेंबर 2024 मेरेन मुजत वाडयल्या. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करूक नाशिल्ल्या सगळ्यां पात्र रेशन कार्ड धारकांनी 30 सप्टेंबर 2024 मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपा खातीर संबंदीत तालूका नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या कचेरीत संपर्क करपाची विनंती केल्या.

30 सप्टेंबर 2024 मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडूक नाशिल्ल्यांची नावां रेशन कार्ड डेटातल्यान तात्पूरती रद्द करपात येतली.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/271

------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.